प्रादेशिक खबरो २१०८२०२५ @ ७.20 pm

1 आदले मुख्यमंत्री आणि मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, तशेच काणकोणचे आमदार आणि आदले सभापती रमेश तवडकर, हाचो आज सोपुत विधी सुवालो जालो

२ माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ली सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर दोन दिसांची प्रशिक्षण कार्यशाळा आयज सुरू जाली.

3 सहकार आणि उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर, 23 ऑगस्टक सकाळीं 10.00 वरांचेर 'चतुर्थी बाजार' चे उक्तावण करतले.

4 राज्य जेष्ठ फिडे मानाकन बुद्धिबळ सर्तीत देवेश नायकान 8 गुणा सयत सरत जीखली.

रश्मी/DIP 170

गोयात बहुप्रतिक्षित मंत्रिमंडळ फेरबदल जालो आणि मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी दोन नवीन मंत्र्यांक मंत्रिमंडळात अस्पावीत करून घेतले. आदले मुख्यमंत्री आणि मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, तशेच काणकोणचे आमदार आणि आदले सभापती रमेश तवडकर, हाचो पणजीत राजभवनाचेर हो सोपुत विधी सुवालो जालो.

ह्या दोगुंय मंत्र्यांनी कोंकणी भाशेत मंत्रीपदाचो सोपुत घेतलो.गोयचे राज्यपाल अशोक गजपती राजू यांनी नवनियुक्त मंत्र्यांक मंत्रीपदाचो आनी गोपनियतेचो सोपूत दिलो.

दोगांय मंत्र्यांची नेमणूक जाल्ल्यान आतां मंत्रीमंडळांत रितीं पदां उरलीं नात. जाल्यार रमेश तवडकार हानी राजिनामो दिल्या उपरांत सभापतीचें पद रितें उरलां. मंत्रीपद मेळोवपा खातीर भाजपाकडे वचपी आठ काँग्रेस आमदारांतले दिगंबर कामत हे एक आमदार आसात. हाचे आदीं काँग्रेसीचे आदले आमदार आलेक्स सीक्वेरा, हांणी काल वैयक्तीक कारणांक लागून

राजिनामो दिलो. या समारंभाक  मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो, उदका स्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर, भलायकी मंत्री विश्वजित राणे, समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाई, वीज मंत्री रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर, आमदार नीलेश काब्राल, डॉ देविया राणे,  जीत आरोलकर, प्रविण आर्लेकर, रूडोल्फ फर्नांडिस, प्रेमेंद्र शेट, संकल्प आमोणकर, दाजी साळकर, मुख्य सचिव डॉ. व्ही कांदवेलू सरकारचे सचिव, वरिष्ठ सरकारी अधिकारी आणि थळावे  नागरिक उपस्थित आशील्ले .

DIP 200

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ली सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर दोन दिसांची प्रशिक्षण कार्यशाळा आयज परवरीच्या कौटिल्य लेख भवनांतल्या लेखा संचालनालयाच्या प्रशिक्षण सभाघरांत सुरू जाली. दरेका सरकारी खात्यान अधिकृत सरकारी दूरध्वनी निर्देशिका ऑनलायन कशी अद्ययावत करची हाचेर वेगवेगळ्या मॉड्यूलांचो आस्पाव ह्या प्रशिक्षणांत केल्लो. मोबायल ॲपा वरवीं बेगीनूच मेळपी हे सुविधे विशींय हाजीर आशिल्ल्यांक म्हायती दिली. प्रशिक्षणाक संसाधन व्यक्तींमदी  डिमर्ज सिस्टम्स इंडियाचे वांगडी म्हळयार सीईओ, मोहनीश वासुदेव घोडेकर, तंत्रीक मुखेली आनी वरिश्ठ सॉफ्टवेअर प्रोग्रामर, किशन नायक, वरिश्ठ सॉफ्टवेअर प्रोग्रामर, श्लोक नेवगी आनी सॉफ्टवेअर प्रोग्रामर / मोबायल ॲप डेव्हलपर, बृजेश राणे हांचो आस्पाव आशिल्लो.

राज्य सरकाराच्या खात्यां विशीं म्हायती आसपावीत केल्या, संबंदीत खात्याच्या दूरध्वनी क्रमांकांचेर तांचो पत्तो, संकेतथळ, ईमेल आयडी सयत ऑनलायन सोद घेवपाची सुविधा दिवपा खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान हालींच राज्या खातीर ऑनलायन दूरध्वनी निर्देशिका अर्ज तयार केल्या. ही ई-टेलिफोन निर्देशिका सामान्य नागरिकाक वेगवेगळ्या सरकारी अधिकाऱ्यां, सरकारी खाती , निम सरकारी खाती , म्हामंडळां आनी स्वायत्त संस्थां कडेन संबंदीत ऑनलायन संपर्क म्हायती सहजतायेन मेळोवपाक एक माची आसतली.

हाचे आदीं डीआयपीचे म्हायती अधिकारी किरण बी मुनणकर हांणी नियुक्त नोडल अधिकाऱ्यांक तांच्या तांच्या खात्याचो संपर्क तपशील ऑनलायन अद्ययावत करचो आनी म्हायती अद्ययावत करपाक बेगोबेग आनी नेमान रावचें अशें आवाहन केलां. तशेंच अद्ययावत

डेटाची अचूकतायेच्या म्हत्वाचेर तांणी भर दिलो. प्रश्नोत्तरांच्या सत्रान प्रशिक्षण सोंपलें. नोडल अधिकारी, ई-गव्हर्नन्स आनी सहाय्यक म्हायती अधिकारी, डीआयपी, गोविंद गांवकार, हेरा सयत हाजीर आशिल्ले.

DIP 80

फर्मागुढी फोंडेच्या आगामी आदिवासी स्वातंत्र्यसैनिक संग्रहालयाचो एक भाग म्हणून, गोवा आदिवासी संशोधन संस्था गोयच्या स्वातंत्र्य चळवळीत भाग घेतील्या आणि ज्यांच्या नावाची अजून नोंद जावूंक ना अशा अनुसूचित जमातीच्या व्यक्तींची नावा गोवा आदिवासी संशोधन संस्थेन आमंत्रित केल्यात.

संस्थेन १५ ऑक्टोबर मरेन गोवा राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आणि विकास महामंडळ लिमिटेड, दुसरो माळो मजला, दयानंद स्मृती, स्वामी विवेकानंद रोड, पणजीच्या कार्यालयात पडताळणी खातीर तपशील धाडपाचे आवाहन केला. आदिवासी संशोधन संस्था गोवा आदिवासींचे दायज वारसा सांभाळपाक आणि येवपी पिळगया खातीर त्यांच्या बलिदानाचो आदर करपाक मौल्यवान सूचना मागयल्यात.

सुभाष 110

राज्यातल्या उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांनी इन गोवा अकादेमीन 2025/26 शिक्षणीक वर्सा खातीर आयोजीत केल्ल्या फिल्म निर्मिती कार्यशाळेंत वांटो घेवचों अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी आवाहन केलां. उत्तर गोंयांतल्या पेडणें, सत्तरी बार्देश, डिचोली, तिसवाडी आनी फोंडा तालुक्यांनी वट्ट १५ कार्यशाळा जातल्यो, आनी धारबांदोडा, काणकोण, केपे, मुरगांव आनी सालसेत ह्या तालुक्यांनी वट्ट धा फिल्म निर्मिती कार्यशाळा जातल्यो अशें तांणी सांगलां. दरेक कार्यशाळेचो काळ पांच दीस आसतलो आनी दनपारां २ ते ५ मेरेन जावपी हे कार्यशाळेच्या दरेका गटांत ३५ ते ४० विद्यार्थ्यांक वांटो घेवंक मेळटलो अशीय म्हायती तांणी दिल्या. पांच दिसांची फिल्म निर्मिती कार्यशाळा पुराय करपी विद्यार्थ्यांक सहभाग प्रमाणपत्र मेळटले. राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांनी ही म्हायती तांच्या विद्यार्थ्यां मेरेन पावोवची अशें शिक्षण संचालनालयान जारी केल्या पत्रकांत म्हळां.

DIP 110

सहकार खातें 23 ते 25 ऑगस्ट मेरेन फोंडेच्या पोरन्या बस स्टँडावेल्या श्री झरेश्वर भौशिक गणेशोत्सव मंडळ सुवातेर 'चतुर्थी बाजार' घडोवन हाडटा. हो चतुर्थी बाजार बचत गटांक आपलीं उत्पादनां एकाच पाख्या खाला प्रदर्शित करपाची आनी उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवन एकामेकांकडे वळख करपाची आनी एकामेकां कडेन संवाद सादून आपल्या वेवसायीक उपक्रमांचो प्रचार करपाची संद दितली. SHGक तांचें उत्पादन प्रदर्शित करपाक सुवात दितले आनी सहकार कायद्या खाला नोंदणी केल्ल्या आनी नोंदणी करपाची इत्सा आशिल्ल्या सगळया गटांक व्यापक प्रसिध्दी दितले. ह्या बाजारांत सहकार कायद्या खाला सगल्या SHGक वांटो घेवंक मेळळा. 23 ऑगस्ट क सकाळीं 9.00 वरांचेर स्थळार नोंदणी सुरू जातली. सहकार आणि उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर, 23 ऑगस्टक सकाळीं 10.00 वरांचेर 'चतुर्थी बाजार' चे उक्तावण करतले.

स्पोट्र्स 80

राज्य जेष्ठ फिडे मानाकन बुद्धिबळ सर्तीत देवेश नायकान 8 गुणा सयत सरत जीखली. ताने सरतीत एकुय हार घेवक ना. सात जैत आणि दोन बादाबाद खेळ जाले. ताका रोख 10 हजार आणि करंड फाव जालो. ऋषिकेश परबाक उप वस्ताद पण फाव जाले. ताचे ७.5 गुण जाले. तिसरी सुवात रुबन कुलासोक जाल्यार चवथी सुवात चैतन्य पाटीलान जोडली.

सरतीत ४२ फिडे मानाकन बुद्धिबळ पटू सयत वटट ९३ जाणानी वाटो घेतलो.सायीशा पटेकार उत्कृष्ट बायल खेळगडे कांता पटेकार उत्कृष्ट वेटरन्स आणि रीस कारवाल्हो उत्कृष्ट अन रेटेड खेळगडो म्हण वेचले.

IMD 110

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता ८३ टक्के आसा. राज्यात फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद १८.1 मिली मीटर जाल्या. फुडले काय दिस हल्को व मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला
तशेच हवामान खात्यान काय सूचना दिल्यात. ह्या पावसाच्या दिसांनी

दृश्यताय खराब जावन वाहना  बंद पडू येतात.रसत्याचेर उदक साठून येरादारीची गचमुडडी जावन परिणामी  प्रवास वेळ वाडपाक शकता. झाडा पडप वीज पडप कच्च्या घराचें आनी झोपडयांचें  कसाण. भूस्खलन/ चिखल अशो घडनुको जाव येता तेना सादुरताय बाळगुची